**Panaji National 11th January 2026 8.40am**

- **प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं शौर्ययात्रांत वाटो घेतले.**
- **खंयच्याय राज्याचे उदरगतींत कायदो आनी सुव्यवस्थेची भूमिका सामकी महत्त्वाची आसता अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां.**
- **केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हाणी काल नवी दिल्लीत राज्या आणि केंद्रशासित प्रदेशां बरोबर अर्थसंकल्पपूर्व सल्लामसलत बसकेची येजमानकी चलयली.**
- **केंद्रीय संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हाणी काल भारतीय पोस्टाच्यो 'स्पीड पोस्ट 24' आनी 'स्पीड पोस्ट 48' दोन नव्यो सेवा जाहीर केल्यो.**
- **भारत आनी न्यूझीलंड हांचे मदीं तीन एका दिसाच्या मॅचींची क्रिकेट माळ आज सुरू जातली.**

----------------------------------------

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज गुजरातांत सोमनाथ स्वाभिमान पर्वांत वांटो घेतले. प्रधानमंत्री काल सांजवेळार तीन दिसांच्या गुजरात भोंवडेर सोमनाथाक पावले आनी देवळाच्या परिसरात 'ओंकार जपात' भाग घेतलो. प्रार्थने उपरांत, प्रभास पाटणच्या आकाशात एक ड्रोन शो आयोजित केल्लो. प्रधानमंत्री आयज शोर्य यात्रेत वाटो घेवन सोमनाथ महादेवाची पूजा करतले. उपरांत ते राजकोटाक वचून व्हायब्रेंट गुजरात प्रादेशिक परिशदेचें उक्तावण करतले.

----------------------------------------

खंयच्याय राज्याचे उदरगतींत कायदो आनी सुव्यवस्थेची भूमिका सामकी महत्त्वाची आसता अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां. कायदो आनी सुवेवस्था चड बरी आशिल्लीं राज्यां गुंतवणूकदारांक चड आकर्शीत करतात अशें तांणी सांगलें. जयपूरांत एका कार्यावळींत उलयतना शाहा हाणी सांगलें, जायतीं आव्हानां आसून लेगीत राजस्थान सरकारान कायदो आनी सुवेवस्थे कडेन खाशेलें लक्ष दिलां आनी

ताका लागून आतां राज्य गुंतवणूकदारां खातीर पसंतीचें ठिकाण म्हणून उदेलां.राजस्थानाचो फुडार उजवल आसा अशें तांणी सांगलें.

---------------------------------------

राष्ट्राचो फुडार घडोवपाक देशांतल्या तरणाट्यांची म्हत्वाची भुमिका गरजेची अशें युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री मनसुख मांडवीय हांणी सांगलें. ते काल नवी दिल्लींत विकसित भारत यंग लीडर्स डायलॉग २०२६ च्या उक्तावण सुवाळ्यात उलयताले. संवाद तरणाटे फुडाऱ्यांक तंत्रगिन्यान, उद्देजकता, शासन, शाश्वतता, आनी समाजीक उदरगत ह्या सारक्या वाठारांनी उपाय योगदान दिवपाक प्रोत्साहन दिता.

हो dialogue 2047 मेरेन विकसित भारत उबारपा खातीर तरणाट्यांची प्रतिभा आनी सृजनशीलताय वळखुपाची प्रक्रिया अशें केंद्रीय मंत्र्यांनी सांगलें. देशाची लोकसंख्या हि ताची सगळ्यांत व्हडलें बळगें अशें तांणी अधोरेखित केले. यंग लीडर्स डायलॉगचे अधोरेखित करताना मांडविया हांणी सांगलें, राष्ट्र निर्मितींत तरणाट्यांचो सक्रीय वांटो सुनिश्चीत करपा खातीर सरकाराच्या वचनबद्धतेचें हें प्रतीक आसा. Byte -27

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सोमारा नवी दिल्लींत जावपी डायलॉगच्या समारोप सत्रांत वाटेकर जातले.

---------------------------------------

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हाणी काल नवी दिल्लीत राज्या आणि केंद्रशासित प्रदेशां बरोबर अर्थसंकल्पपूर्व सल्लामसलत बसकेची येजमानकी चलयली. हे बसकेंत अर्थ राज्यमंत्री पंकज चौधरी, मणिपूरचो राज्यपाल, गोंय, हरियाणा, मेघालय, सिक्किम, दिल्ली, आनी जम्मू-काश्मीरचे मुख्यमंत्री आनी अरुणाचल प्रदेश, मध्य प्रदेश, ओडिशा, राजस्थान, तेलंगनाचे उपमुख्यमंत्री हाजीर आशिल्ले. हे बसकेंत राज्या आनी केंद्र शासित प्रदेशांतले अर्थमंत्री आनी हेर मंत्रीय हाजीर आशिल्ले.

हे बसकेंत सहभागींनी 2026-27 वर्साच्या केंद्रीय अर्थसंकल्पांत विचार करपा खातीर अर्थमंत्र्यांक जायत्यो सुचोवण्यो दिल्यो अशें अर्थ मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. अनेक सहभागी सदस्यांनी भांडवली गुंतवणुकीखातीर राज्यांक विशेष सहाय्य येवजण (एसएएससीआय) अधिक निधी संयत सुरू दवरची, अशी मागणी केली. हे येवजणे खाला केंद्र सरकारान 2020-21 सावन 50 वर्सां खातीर राज्यांक व्याजमुक्त रिणाच्या रुपांत 4 लाख 25 हजार कोटी रुपया वयर दिले. अर्थसंकल्प तयार करतना ह्या

सगल्या सुचोवण्यांचो योग्य अभ्यास आनी विचार जातलो अशें सीतारामन हाणी हाजीर आशिल्ल्या सगल्या मानेस्तांक आश्वासन दिलें.
संसदेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन ह्या म्हयन्याच्या 28 तारखेक सुरू जावपाचें आसा.

----------------------------------------

केंद्रीय संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हाणी  काल भारतीय पोस्टाच्यो दोन नव्यो सेवा जाहीर केल्यो - 'स्पीड पोस्ट 24' आनी 'स्पीड पोस्ट 48'. ह्या सेवांक लागून 24 आनी 48 वरां भितर मेल आनी कागदपत्रांची सुरक्षित डिलिव्हरी सुनिश्चित जातली. सिंडिया हांणी मध्य प्रदेशांतल्या शिवपुरी जिल्ह्यांतल्या पिछोरात ही घोशणा केली. टपाल सेवांच्या आधुनिकीकरणाच्या दिकेन हें एक म्हत्वाचें पावल. ह्यो सेवा वेळेत, विश्वासार्ह आणि जलद वितरणाचो एक नवो मानक स्थापित करतले. ह्या वेळार सिंडिया हांणी 2 लाख रुपया खर्च करून नूतनीकरण केल्ल्या पिछोरा उप टपाल खात्याचें उक्तावण केलें आनी एक कोटी 11 लाख रुपया खर्च करून बांदपा आशिल्ल्या नव्या  उप कार्यालय इमारतीचो बुन्याद घालो.

----------------------------------------

संवसारीक महाशक्त म्हणून देश उदेपा खातीर आत्मनिर्भरताय म्हत्वाची अशें गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगले. ते काल जोधपूरच्या मारवाड इंटरनेशनल सेंटरात जाल्ल्या महेश्वरी समुदायाच्या राष्ट्रीय अधिवेशनांत उलयताले. शाहा हाणी देशी उत्पादनांचो वापर केल्यार देश आत्मनिर्भर आनी स्वावलंबी जातलो अशें सांगलें. तांणी मातृभाषेक प्रोत्साहन दिवपाचे महत्त्व य तांणी अधोरेखित केले. Byte -28

----------------------------------------

नवी दिल्ली संवसारीक पुस्तक मेळावो 2026 ची 53 वी आवृत्ती काल राष्ट्रीय राजधानींत सुरू जाली. णव दिसांच्या ह्या मेळाव्यात 35 परस चड देशांतले हजारां वयर प्रकाशक वाटेकार जाल्यात. ह्या कार्यावळीचें उक्तावण शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी केलें.

----------------------------------------

भारतीय नौदळ ह्या म्हयन्याच्या 12 ते 16 मेरेन लक्षद्वीपांत संयुक्त सेवा बहुविशेषता वैजकी शिबिर घडोवन हाडटा.हे आयोजन भलायकी सेवा विस्तार, सामुदायिक कल्याण आणि निरंतर नागरी-लष्करी सहकार्याप्रती नौदलाची वचनबद्धता अधोरेखित

करता.पांच दिसांच्या भलायकी शिबिराचें औपचारीक उक्तावण नौदल प्रमुख ॲडमिरल दिनेश के त्रिपाठी करतले अशी म्हायती संरक्षण मंत्रालयान दिल्या. ह्या शिबिरांत अगाटी, कवरत्ती, एंड्रोथ, अमिनी आनी मिनिकॉय जुंव्यांचो आस्पाव आसतलो.

-----------------------------------------

दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश, झारखंड, उत्तर अंतर्गत कर्नाटक, ओडिशा, पंजाब, राजस्थान, आनी उत्तराखंडांत आज कुडकुडयाचे शि पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. आज हरियाणा, दिल्ली, राजस्थान, चंडीगढ, पंजाब ह्या वाठारांनी दाट धुकें पातळपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यान फुडले तीन दीस तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईक्कल हांगा घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

-----------------------------------------

नवी मुंबयत जाल्ल्या बायलांच्या प्रिमियर क्रिकेट लीगांत मुंबय इंडियन्सान दिल्ली कॅपिटल्साक 50 धांवड्यांनी हारयलो.

पयली फलंदाजी करपी मुंबय इंडियन्सान निर्धारित 20 ओव्हरींनी चार विकेटी वगडावन 195 धांवड्यो केल्यो. कर्णधार हरमनप्रीत कौरान अपराजित 75 धांवड्यो आनी नॅट सायव्हर-ब्रंट हाणें 70 धांवड्यो केल्यो. दिल्ली कॅपिटल्स खातीर नंदिनी शर्मा हांणी दोन विकेटी घेतल्यो जाल्यार चिनेले हेन्री आनी श्री चरणी हांणी दरेकीं एक विकेटी घेतली. लक्ष्याचो फाटलाव करपी दिल्ली कॅपिटल्स 145 धांवड्यो करून ऑल आउट जाली.मुंबय इंडियन्साच्या पंगडा खातीर निकोला कॅरी आनी अमेलिया केर हांणी दरेकीं तीन विकेटी घेतल्यो.

आयज नवी मुंबयच्या डॉ डी वाय पाटील स्पोर्ट्स अकादेमींत दिल्ली कॅपिटल्स आनी गुजरात जायंटस पंगडा मदि खेळ जातलो. मॅच सांज वेळार साडे सातांक सुरू जातली.

-----------------------------------------